# <u>प्रजासत्ताक दीस सुवाळो</u>

ता. 21 जानेवारी 2025

देशाच्या हेर वाठारांप्रमाण गोंय राज्यांतय 26 जानेवारी 2023 दिसा प्रजासत्ताक दीस मनोवपात येतलो. राज्य पांवड्यावयलो प्रजासत्ताक दीस सुवाळो सकाळी 8.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर हॅलीपॅड वाठारात जातलो. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दितले आनी उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले. सुवाळ्याच्या थळार राज्यपालांक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक श्री. अलोक कुमार, गोंय विभागाचे ध्वजाधिकारी येवकार दितले.

प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक मंत्री, खासदार, विरोधी पक्ष फुडारी श्री. युरी आलेमांव, आमदांर, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, एडव्होकेट जनरल आनी हेर मानेस्त उपस्थित रावतले.

राज्य पावंड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात विंगड विंगड शाळांची भुरगीं सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर करतली.

तशेंच राज्यांत जिल्हा आनी तालुका पांवड्याचेरय प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याचे आयोजन जातले. मडगांवा जिल्हा पावंड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात कायदो आनी न्यायमंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

त्याच वांगडा तालुका पांवड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात म्हापशें हांगा पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, वास्को हांगा येरादारीमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, सांगे समाज कल्याणमंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, काणकोणा उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकार, पेडणे हांगा नुस्तेमारीमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर केपे वीजमंत्री श्री. रामकृष्ण उर्फ सुदीन ढवळीकर, धारबांदोडे हांगा आमदार श्री. गणेश गांवकार, दिवचल आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट तिरंगो बावटो हुबयतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/73

--
-----------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.